Panaji Regional 17th September 2025 7.25am

GST – 60

सुधारीत gst चो लाव सर्वसामान्यांक खुब बऱ्या पद्धतीन जातलो असो विस्वास भाजपाचे राश्टीय म्हणयारे तुहीन सिन्हा हांणी उक्तायलो. ते काल पणजेत भाजप कार्यालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत उलयताले. gst तल्यान आयील्ल्या येनावळीतल्यान बऱ्यो साधन सुविधा भाजपाच्या सरकार नागरीकांक दील्या अशे तांणी म्हणला. BYTE Sinha

ह्यावेळार गाँय प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक, तशेंच आमदार दाजी साळकार, भाजपाचे फुडारी सिद्धार्थ कुंकळ्येकार, हाजीर आशील्ले.

-----------------------------

Rohan – 70

गोंय हे संसारभर फामाद आशील्ले नामनेचे पर्यटन थंळ. sun sand and sea सयत गोंयात adventure, wellness तशेंच खाणा जेवणाचे केंद्र जावपाची ताक आसा अशे पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला. ते गोंयात national restaurant association of India वतीन पणजेत आयोजीत खासा परीशदेत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. BYTE

काल आनी आज ही परीशद जाता. ह्या परीशदेत hospitality industry तल्या सुमार 1500 प्रतीनीधीनी वाटो घेतला. कलकत्ता, हैदराबाद चेन्नय उपरांत गोयात ह्या परिषदेच्या चवथ्या आवृत्तीचे आयोजन केला.

-----------------------------------

Goa Police – 80

राष्ट्रीय रक्षा विद्यापीठाच्या अंतर्गत सुरक्षा आणि स्मार्ट पुलिसिंग स्कूलान गोय पुलिसांच्या सहकार्यान आयोजित केलल्या पर्यटन पुलिसिंग विशीच्या पाच दिसांच्या निवासी प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे उक्तावण केले. हातूंत जम्मू-काश्मीर, दमन आनी दीव आनी दादरा आनी नगर हवेली, अंदमान आनी निकोबार, लक्षद्वीप आनी गोंयांतले पुलीस अधिकारी वांटो घेतात. कार्यावळीच्या उक्तावण सत्राच्या अध्यक्षस्थानी मुखेल सोयरे म्हूण, गोंयचे पुलीस महासंचालक आलोक कुमार; जाल्यार गोंयचे पुलीस महानिरीक्षक के.आर. चौरसिया, राष्ट्रीय रक्षा विद्यापीठाच्या अंतर्गत सुरक्षा आणि स्मार्ट पुलिसिंग स्कूलचे संचालक भवानीसिंह राठौर, गोयचे पुलीस अधीक्षक (प्रशिक्षण) विश्राम बोरकर हे मानाचे सोयरे म्हूण हजर आशिल्ले.

-------------------------------

Subhash – 90

राज्य सरकाराच्या वजन आनी माप खात्यान गिरायक जागृताय करपा खातीर ‘गोवाग्राम’ ह्या ई नेमाळ्याची पांचवी आवृत्ती उजवाडायल्या. गिरायक जागृताय, गिरायकांचो आवाज वाडोवप हे केंद्रीय संकल्पने खाला गिरायक चळवळींत मुखार आशिल्ल्या जायत्या जाणांचे लेख गोवा ग्रामाच्या पांचव्या आवृत्तींत उजवाडाक आयल्यात. आयच्या काळांत गिरायकांक जाय आशिल्लो माल आनी वस्तु सहजपणान मेळटा आनी ताचे खातीर गिरायकांनी चड जागृत आनी सादूर रावपाक जाय अशें वजन आनी माप विभागाचे निरिक्षक, नेमाळ्याचे संपादक अरुण पंचवाडकार हांणी गोवाग्राम ह्या ई नेमाळ्याच्या संपादकीयांतल्यान सांगलां. ह्या नेमाळ्यांत गिरायकांच्या समस्यांक जापो दिल्यात आनी गिरायकांक मार्गदर्शन करून राज्यांत गिरायक जागृताय वाडोवपाचें काम सुरू आसा.

---------------------------

DIP – 90

भारत सरकारच्या कायदो आनी न्याय मंत्रालयाच्या इन्स्टिट्यूट ऑफ लेजिस्लेटिव्ह ड्राफ्टिंग अँड रिसर्च विभागान गोंय सरकारच्या कायदो विभाग आनी गोंय विधिमंडळ सचिवालयाच्या सहकार्यान काल मंगळारा पर्वरे गोंय विधानसभा संकुलात कायदो विशयक मसुदो तयार करपाच्या 35 व्या अभ्यासक्रमाचे आयोजव केल्ले. विधिमंडळाचे वकील के. के. शर्मा आनी गिरीधर गोपाल वर्मा हांच्या फुडारपणा खाला जाल्ल्या अभ्यासक्रम शिबीरात वेग वेगळ्या राज्यांतल्या 20 प्रशिक्षणार्थी अधिकाऱ्यांच्या गटान वाटो घेतिल्लो.

कायदो सचीव संदीप जॅकिस, कायदो विभागाच्यो सहसचीव नम्रता उल्मन, सहसचीव मोहन गावकर आनी गोंय विधिमंडळ सचिवालयाचे समिती अधिकारी एकनाथ सावंत ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें. स्थ्रिगधरा नाईक आनी प्रणव साळगावकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

--------------------------------

Weather – 20

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडा चड तापमान 29 डिग्रीस celcius आनि उण्यांत उणे तापमान २4 डिग्रीस celcius इतले आसतले.

-------------------------------

Goa Cricket – 90

गोंय क्रिकेट संघटणेचे काल  जाल्ले वेंचणुकेंत चेतन देसाय हांच्या पॅनलान परिवर्तन गटाक हारयलें आनी ही वेंचणूक जिखली. अध्यक्षपदाचे वेंचणुकेंत चेतन देसाय पॅनलचे महेश देसाय हांणी  परिवर्तन पॅनलाचे महेश कांदोळकर हांकां हारयले. चेतन देसाय पॅनलचे सगले उमेदवार जैतिवंत थारले. हे वेंचणुकेंत सगल्या 107 क्लबांच्या प्रतिनिधींनी मतदान केलें.अध्यक्ष : महेश देसाय, उपाध्यक्ष : परेश फडते ,सचीव :  तुळशीदास शेट्ये, सहसचीव : अनंत नायक ,भांडारी : सय्यद अब्दुल माजीद आनी वांगडी पदाच्या वेंचणुकेत महेश बेहकी हांका जैत मेळ्ळा. राज्यातले क्लब तशेच क्रिकेट खातीर वावर करपाक म्हजे प्राधान्य आसतलें, अशें नवे अध्यक्ष महेश देसाय हांणी सांगलें.